**शेतकारांनी सेंद्रीय खत निर्मिती वेवसाय करपाचो मुख्यमंत्र्यांचो उलो**

ता. 28 मार्च 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी शेतकारांक सेंद्रीय खत निर्मिती वेवसाय सुरू करपाचो उलो मारला. पर्यावरणाचो सांबाळ करपाक, मनशाची भलायकी निरोगी राखपाक, अर्थिक मिळकत वाडोवपाक सेंद्रीय खताचो फायदो जाता. तयार केल्ले सेंद्रीय खत सरकार विकते घेतले आनी ते गरजू शेतकारांक अनुदानीत दरान विकतले, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

मुख्यमंत्री आयज साखळेच्या रविंद्र भवनात कृशी संचालनालयान शेतकी तंत्रज्ञान वेवस्थापन एजन्सीच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या दोन दिसाच्या गिरायक-विक्रेतो मेळाव्याचें उक्तावण केले उपरांत उलयताले.

ह्या वेळार आमदार आनी गोंय राज्य बागायत म्हामंडळाचे अध्याक्ष श्री. प्रेमेंद्र शेट, साखळी नगरपालिकेच्यो नगराध्यक्ष श्रीमती सिध्दी प्रभू परब, दिवचल नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री. विजयकुमार नाटेकर, उत्तर गोंय जिल्हा पंचायत अध्यक्ष श्री. शंकर चोडणकर, दक्षीण गोंय जिल्हा पंचायत अध्यक्ष श्रीमती संजना वेळीप, जिल्हा पंचायत सदस्य गोपाळ सुर्लीकर आनी महेश सावंत, कृशी खात्याचे संचालक संदीप फळदेसाय, उपसंचालक किशोर भावे, गोंय राज्य बागायत म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक चंद्रहास देसाय, विभागीय कृशी अधिकारी श्रीमती निलिमा गावस आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान शेतकारांक पडीक जमीन लागवडी खाला हाडपाचो उलो मारलो. आधुनिक शेती तंत्राचो वापर करून पडीक जमीन लागवडी खाला हाडप शक्य आसून अशें केल्ल्यान शेती उत्पादन वाडपा बरोबर शेतकारांचे अर्थिक उत्पन्न वाडपाक मजत जातली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

दिवचल म्हालातल्या सुर्ला हांगा उबारपात येवपी नियोजीत ऑटोमेटेड कृशी प्रकल्पा विशीं म्हायती दितना मुख्यमंत्र्यान हो प्रकल्प स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमा खाला 4.5 कोटी रूपया खर्च करून उबारपात येतलो आनी वाठारांतल्या शंभर शेतकारांक ताचो फायदो जातलो, अशें सांगलें.

आमदार श्री. प्रेमेंद्र शेट हांणी शेतकारांक शेती खात्याच्या येवजणांचो लाव घेवन आपले शेती उत्पादन वाडोवपाचो आनी आत्मनिर्भर जावपाचो उलो मारलो.

सुरवातीक कृशी खात्याचे संचालक संदीप फळदेसाय हांणी मानेस्तांक येवकार दिवन गिरायक-विक्रेतो मेळावो आयोजीत करपा फाटलो उद्देश सांगलो.

रंजना मळीक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले जाल्यार किशोर भावे हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/296

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.